# गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजण परिक्षा 5 जानेवारीक

ता. 28 ऑक्टोबर 2024

राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळान शिक्षणीक वर्स 2024 (प्रकल्प वर्स 2025-2026) ची इयत्ता 8 वीच्या विद्यार्थ्यां खातीरची राज्य पांवड्यावयली राष्ट्रीय माध्यम तथा गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजण परिक्षा आयतार ता. 5 जानेवारी 2025 दिसा आयोजीत करपाचे थारायला. ही परिक्षा 12 तालुक्यांतल्या केंद्रांचेर म्हणजे दिवचल, बार्देस, पेडणे, सत्तरी, तिसवाडी, फोंडा, साश्ट, सांगे, काणकोण, केपे, धारबांदोडा आनी मुरगांव केंद्रांचेर जातली. हे येवजणे खाला दर वर्सा गोंय राज्यांतल्या इयत्ता 9 वी ते 12 वी मेरेनच्या गुणवान विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती दितात. 8 वीच्या इयत्तेत शिकपी विद्यार्थ्यां खातीर ही परिक्षा घेतात. अर्थिक तरेन दुबळ्या घटकांतल्या गुणवान विद्यार्थ्यांखातीर ही येवजण आसून विद्यार्थ्यांच्या पालकांची वर्सुकी येणावळ 3.50 लाखा सकयल आसपाक जाय.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/588

--
-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.